Panaji regional news on 20th March 2025 at 7.25 am

सुशांत 120

मडगांवची सगळ्यांत पोरनी संस्था आशिल्ल्या मठग्रामस्थ हिंदू सभेवतीन जांबावलेच्या श्री रामनाथ दामोदर देवस्थानांत मनोवपी स दिसांच्या शिगम्याची आज सावन सुरूवात जातली.  काल राती कोंब-मडगाव हांगा सर्गेस्त पुरुषोत्तम पांडुरंग केणी हांच्या घरात शिगम्याच्या नाल्लाची पूजा जाली. आज हो नाल्ल मिरवणूक काडून जांबावलेच्या दामोदर देवस्थानात व्हरतले. जांबावलेचो फामाद गुलालोत्सव मंगळारा 25 मार्चाक मनयतले. बाटाबाटीच्या काळांत दामोदराची मूर्त मडगांवांतल्यान जांबावले व्हेल्ली. आतां ते परंपरेचो एक भाग म्हूण शिगम्याच्या नाल्लाची पुजा मडगावात करतात आनी उपरांत हो नाल्ल जांबावलींतल्या दामोदर देवळांत व्हरून उत्सवाची सुरवात जाता.

ह्या निमतान शेनवार, आयतार आनी सोमार अशें तीन दीस जांबावले नाटकां जातलीं. सोमारा फांतोडेर 3 वरांचेर नाटकाची सुरूवात जातली आनी मंगळारा 25 मार्चाक गुलाल उत्सव जातलो. ते उपरांत रातच्या वेळार न्हवऱ्या-व्हंकलेचें लग्न जातलें आनी दुसऱ्या दिसा 26 मार्चाक धुळपेट जाल्या उपरांत हो उत्सव सोंपतलो.

गणेश 90

.मुखेलमंत्री म्हणून डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल ६ वर्सांचो कार्यकाळ पुराय केला. ह्या निमतान पणजेच्या कार्यालयांत पत्रकार परिशदेचें आयोजन केल्लें. ह्या वेळार आमदार दिलायला लोबो, आमदार केदार नायक आनी भाजपाच्या आयटी विभागाचे अध्यक्ष आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेंकार हजर आशिल्ले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या ६ वर्सांच्या कामाचो आलेख मांडलो. सेगीत ६ वर्सां मुखेलमंत्री म्हणून राज्याचो कारभार समर्थपणान सांबाळिल्ले खातीर तांकां परबीं भेटयलीं. मोपा विमानातळ, जुवारी पूल तशेंच पुराय जाल्ल्या हेर प्रकल्पांचो उल्लेख केलो. योग्य वेळार मुखेलमंत्री मंत्रिमंडळ फेरबदला विशीं निर्णय

घेतलें.मंत्रिमंडळ फेरबदला विशीं उलोपाचो अधिकार आमकां ना, अशें समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी पत्रकार परिशदेंत सांगले .

सुभाष 80

राज्य सरकाराच्या ई-कोयरा संदर्भातल्या नव्या धोरणांक अंतीम रुप दिवपाच्या वावराक सुरवात जाल्या. गोंयात ई- कोयराचे प्रमाण बरेंच वाडला आनी ताचो विलो लावपाक येतात त्यो अडचणी पयस करपाक ह्या धोरणची गरज आसा अशें गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान सांगला. एका अदमासा प्रमाण राज्यांत दरवर्सा ७ हजार टन ई- कोयर तयार जाता. संगणक वाठारांत जावपी नवे नवे बदल तशेंच 'वापरात आनी भायर वडयात ' हे मानसिकतेक लागून ई - कोयराचे प्रमाण हिसपा भायर वाडटा. - कोयराचो विलो सारको जालोना जाल्यार जावपी प्रदुशण आडावपाक शक्य जावंचे ना अशें जाणकारांचे मत आसा.

डेस्क 30

आमच्या खबरा विभागन सादर केलली पणजी स्मार्ट सिटी मिशनचे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजीत रोड्रिगस हांची मुलाखत आता आयकांत सकाळी 7.30 एफ एम रेनबोचेर आनी म्हादय वाहिनीचेर सांजे 6.35 मिंटाचेर

महेश sir 70

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. शिक्षणीक पात्रताय पदवी मेरेनचें शिक्षण.पिराय FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचो .कामाच्या दिसांनी 11ते 1 वरां मजगती पुराय भरिल्ले अर्ज आनि परीक्षे खातीरची फी घेवन आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा दिवचे. अर्ज धाडपाची निमणी तारीक:: 25 मार्च 2025 आसा.

DIP 100

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 25 वर्सां वा चड काळ अनुसूचीत जातीच्या कल्याणा खातीर काम करपी व्यक्तिकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिलक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा पुरस्कार भेटयतले.

अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो हेत आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर फाटली 25 वर्सां काम करपी आसपाक जाय .

इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय हांगा कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पुराय भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यांसयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 1 एप्रिल आसा.